2014 III 05 | 1000 | Seat No. [ ]

Time: 2½ Hours

# KONKANI LANGUAGE - II

**Subject Code**

| H | 4 | 2 | 2 |
|---|---|---|---|

**Total No. Of Questions: 8** | **(Printed Pages: 8)** | **Maximum Marks: 80**

***INSTRUCTIONS:-***

*(1) Answer each question on a fresh page.*

*(2) Write the No. of questions and sub-questions clearly.*

*(3) All questions are compulsory.*

*(4) Figures to the right indicate full marks.*

1. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **तीन** विधानांचें संदर्भासयत स्पश्टीकरण करातः (12)

(क) तुजेर हांव जापसालदारकी घालतां ताचें कारण तूं आज कुरूकुलाचो ज्येष्ठ पुरूष.

(ख) हें सगलें तुमकां आपशीं मेळपाचें ना ............. तुमकां झुजचें पडटलें.

(ग) "पांच पाकळयांचें फूल मेळटा तो भाग्यवंत खंय! "

(घ) "हें घर हांगाच दवरप?"

2. (क) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **दोन** प्रस्नांच्यो जापो दरेकी 8 ते 10 उतरांनी बरयात: (2)

(अ) आयज शालेय अभ्यास–क्रमांत कसल्या विशयांचो आस्वाव केला?

(आ) दिव्याच्या उजवाडांत खंयचो परिसर चड सुंदर दिसतालो?

(इ) भुरग्यांन अर्द–फुटके आनी कळमेल्लें ताट आरमारींत कित्याखातीर दवरिल्लें ?

(ख) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **दोन** प्रस्नांच्यो जापो दरेकी 40 ते 45 उतरांनी बरयात: (6)

(अ) भुरगीं आनी डॉ. अब्दूल कलाम हांचें नातें कशें आशिल्लें?

(आ) पूल जावचे पयलीं कोडीबाग बंदराक कित्याक लागून म्हत्व आशिल्ले?

(इ) मामाल्या घरा पावतकीच रमेशाक खंयचे बदल दिसून आयले?

3. (क) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **दोन** अवतरणांचें संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात: (6)

(अ) म्हज्या घारकुशीक शेजारी

माया ममतेचे पुजारी

उल्याक धांवप,

गरजेक पावप

(आ) मागदेरिंच्या केळी माथ्यालें

घडालें पिकून भांगर जालां

(इ) पोर्सा मळे कसयतलों

सड्यार फुलां फुलयतलों

(ख) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **दोन** प्रस्नांच्यो जापो दरेकी **40** ते **45** उतरांनी बरयातः (6)

(अ) कवीन होळये रातीचें वर्णन कशे तरेन केलां ?

(आ) भारतीय संगीत आनी पाश्चात्य संगीत हांचो संबंद कवीन कशेतरेन दाखोवन दिला?

(इ) 'हाड चेडवा बुडकुलो' हे कवितेंतलो मोगी सोयऱ्यां आनी हेर लोकांविशी राग कसो उक्तायता?

4. (क) सकयल दिल्लीं वाक्यां कंसांत सुचयल्ले प्रमाण बदलून बरयात : (4)

(अ) जाण्ट्यांक वृध्दाश्रमांत दवरप लुसकानीचेंय जांव येता. (न्हयकारी करात)

(आ) पिसोळे गांव म्हाका आवडलो ना. (प्रश्नार्थी करात)

(इ) तेखातीर तुमी जागरूक आनी प्रयत्नशील रावंक नाकात? (आज्ञार्थी करात)

(ई) ताच्या (पांय) थरथर म्हाका जाणवलीच.

(कंसात दिल्ल्या उतराक फावो तो विभक्ती प्रत्यय लायात)

(ख) सकयल दिल्ल्या वाक्यांत आडी मारिल्ल्या उतरांच्या जाग्यार कंसांत दिल्ल्या योग्य त्या वाक्प्रचारांचो वापर करून विधानां परतून बरयात : (2)

(अ) रमेशाक घरा येवपाक वेळ जालो म्हूण ताचे आवयक हुस्को जालो.

(आ) चडशे तरणाटे जाण्टेल्यांक मान दिनात.

(एकाची दोन करप, फुटके पायलेन मेजप, सार्थक जावप, जिवाक गोळ लागप)

(ग) सकयल कंसांत दिल्ल्या क्रियापदांचें फावो तें रूप रित्या सुवातींनी घालून उतारो पुराय करून बरयात: (2)

संवसारांत जायतो वेवसाय ................ ते सगले आपापले परीन मनशाची उदरगत सादूंक..................

(मेळप, वांवुरप, आसप, सोंपप)

(घ) सकयल दिल्ल्या उतरांची उरफाट्या अर्थाचीं उतरां बरयात: (2)

(अ) व्हड

(आ) वळखी

5. (क) सकयल दिल्ल्या उतरांची विशेशणां बरयात: (2)

(अ) भुरगेपण

(आ) संस्कार

(ख) सकयल दिल्ल्या उतरांची भाववाचक नामां बरयात: (2)

(अ) कश्टाळू

(आ) कुशळ

(ग) सकयल दिल्ल्या ओपारींचें अर्थ बरयात: (6)

(अ) बोल्सांत ना दमडी, भोंवता सगली चावडी.

(आ) मोडक्या खुरसाक कोण पांयां पडटा?

(इ) गूट सांगलो, दुसरो धनी जालो.

(ई) धरल्यार चावता, सोडल्यार पळटा.

(उ) देवान दिलें, कर्मान व्हेलें.

(ऊ) सुण्याची शेंपडी वांकडी ती वांकडीच.

6. (क) सरस्वती उच्च माध्यमिक विद्यालयांत विद्यार्थी मंडळाचो उक्तावण सुवाळो मनयलो ताचो वाको/वृत्तांत 60–70 उतरांनी बरयात. (4)

(ख) 'शिक्षणाचें म्हत्व' ह्या विशयाचेर तुमच्या इश्ट/इश्टिणी वांगडा केल्लो संवाद 8–10 वाक्यांनी बरयात. (4)

7. (क) सरकारी उच्च माध्यमिक विद्यालयांत आयोजीत केल्ल्या 'नाच सर्त' कार्यावळीची आमत्रंण पत्रिका/आपोवणें तयार करात. (4)

(ख) सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचेर विचारिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो तुमच्या उतरांनी बरयात:

उच्चशिक्षाविभूषित अशी बायलांची संख्या जायती वाडल्या. उंचेल्या पांवड्याचेर अधिकारी म्हूण आमी वावुरतात तरीं घरकाम, भुरग्याक सांबाळप, नातीं जपप हेंच बायलांचें प्रथमदर्शनीच काम म्हूण आमी मानतात. बायलांचेर अर्थीक, समाजीक, सांस्कृतीक, राजकी सगळया मळांनी प्रत्येक वाटेर बंदनाच बंदना आयल्यांत.

भारतीय घटनेन दादल्या बायलांक समान हक्क दिला पूण हाची अंमलबजावणी खऱ्या अर्थान जांवक जाय अशी जालीच ना. ह्या पुरूशप्रधान समाजांत बायल अबला ह्या शब्दाचो त्याग करून संघटीत जावन फांटलीं कितलींच वर्सा अंतरराष्टीय महिला दीस मनयता. 8 मार्च हो बायलांचो दीस म्हूण आमी मनयतात. खरेंच गरज आसा काय हो मनोवपाची ? ह्या स्त्री चळवळीची ? ह्या प्रस्नाचेर खोलवर विचार जावपाक जाय.

प्रस्न:

(1) बायलांचेर प्रत्येक वाटेर कसली बंदनां आयल्यांत? (1)

(2) भारतीय घटनेंत खंयच्या हक्काची अंमलबजावणी खऱ्या अर्थान जावंक ना? (1)

(3) 'बायलांचो दीस ' खंयच्या दिसा मनयतात? (1)

(4) उतान्याक फावो सारको माथाळो दियात. (1)

8. (क) समीर / समीरा देसाय, घर नं. 502, आकें, मडगांव –गोंय साकून दिल्ल्या पदाखतीर अर्ज करता अशें समजून चीट बरयात. (4)

| जायरात |
| --- |
| <u>गरज आसा</u><br><br>संगणक शिक्षक (Computer Teacher)<br><br>शिक्षणीक पात्रताय : बारावी पास,<br>संगणकाचो दाखलो आसप गरजेचें,<br>कोंकणी भाशेचें गिन्यान गरजेचें.<br><br>अणभवः उण्यात उणें एक वर्स.<br><br>पुराय म्हायती सयत अर्ज करात. |
| संपर्क : वेवस्थापक,<br>प्रगती उच्च माध्यमिक विद्यालय<br>कोंबा, मडगांव–गोंय. |

(ख) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **एका** विशयाचेर सुमार 250 उतरांनी निबंध बरयात: (8)

(अ) पर्यावरण आनी हांव

(आ) दूरदर्शन–वरदान वा शाप

(इ) हांव जाण्टों उलयतां ..........

(ई) दर्यावेळेर एक सांज

---------X----------X---------